आकाशवाणी Panaji

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो

- प्रत्येकांक हक्काचे  घर मेळचें ह्या हेतान म्हजे घर येवजण आनी कायदो तयार जालो अशें mukhelmantri dr Pramod sawant hani सांगले
- गोंय पर्यटन खात्यान नवे 'गोवा एअरो स्पोर्ट्स नेम 2025' अधिसूचित केल्या.
- प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान  खंयच्याय  व्यक्तीक sewage गटार वा सेप्टिक टाकयेच्या जोखीमेच्या नितळसाण करपाच्या कामा खातीर नियुक्त करपाक बंदी आसा, अशें समाज कल्याण खात्यान कळीत केला.
- दिव्यांगत्व  व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयान दिव्यांग श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक , उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था, उत्कृश्ठ दिव्यांग व्यक्ती (एक पुरस्कार) आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी he राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर दिव्यांग कर्मचाऱ्यां कडल्यान विहित नमु/न्यातल्यान अर्ज मागयल्यात.

Mhaje ghar priol subhash  60

नव्या कायद्याखाला स म्हयन्याभितर सगळीं घरां कायदेशीर जातली अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. ते आयज प्रियोळ मतदारसंघात ' म्हजें घर ' येवजणेचे अर्ज वितरण सुवाळ्यांत उलयताले. दरेक मनीस आपल्या जिणेंत एकूच घर बांदता आनी म्हूण प्रत्येकांक हक्काचे  घर मेळचें ह्या हेतान म्हजे घर येवजण आनी कायदो तयार जालो अशें मुखेलमंत्र्यांन सांगले. आयज प्रियोळ मतदारसंघात मुखेलमंत्र्यांच्या हजेरेंत म्हजे घर येवजणेचे अर्ज वितरित जाले byte cm

Mhaje ghar ponda prasad 120

raज्य सरकारान गोयकारांच्या  फायद्या खातीर मझे घर येवजण चालीक लायल्या आनी तांका तांच्या घराचो मालकी हक्क दितले आनी गोयकार  सदां खातीर भंय मुक्त जातले. फोंडा मतदारसंघांतल्या मझे घर येवजणे विशीं म्हायती दिवपा खातीर आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत  मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत उलयताले. आयज सकाळीं फोंडाच्या रुक्मिणी सभाघरांत ही कार्यावळ जाली.

सामान्य आनी गरीब लोकांक स्वताच्या घरांचो हक्क मेळचो हे खातीर सरकारान ही येवजण सुरू केल्या . कांय कायदेशीर आनी तंत्रीक अडचणींक लागून राज्यांतल्या जायत्या घरांचे कायदेशीर हक्क आतां हे मझे घर येवजणे खाला मेळटले. आतां सावन घराची कायदेशीर सनद आनी हेर कागदपत्रां मेळोवपा खातीर थळाव्या पंच वांगड्यांचेर आनी नगरसेवकांचेर आदारून रावपाची गरज ना, पूण सरकारान सुरू केल्ल्या ह्या येवजणेचो पुराय फायदो जावचो हे खातीर सरकार सरकारी यंत्रणा चालीक लायतले अशेंय मुख्यमंत्र्यान फुडें सांगलें.

Ganesh tourism 110

पर्यटकांच्या जिवाक धोको निर्माण करून चलपी हवाई खेळां खातीर राज्य सरकारान खर नेम केल्यात. नेमाचें उल्लंघन केल्यार 2 लाख रुपया मेरेन दंड भरचो पडूं येता. उपकरणां जप्त करपा वांगडाच परवानोय रद्द जावं येता. पायलट आनी प्रवाशाक उण्यांत उणो 15 लाख रुपया वैयक्तीक अपघात विमो दिवप ऑपरेटर्साक बंधनकारक आसा.

हे संबंदी गोंय पर्यटन खात्यान नवे ‘गोवा एअरो स्पोर्ट्स नेम 2025’ अधिसूचित केल्या.

सुरक्षेच्या नेमाचें उल्लंघन केल्यार खर ख्यास्त दिवपाची तरतूद तातूंत आसा. गुन्यांवा प्रमाण आनी परतून परतून तशें केल्यार 2 लाख रुपया मेरेन दंड, कायम काळया वळेरेंत घालप, उपकरणां जप्त करप आनी नोंदणी वा परवानो रद्द करपाची तरतूद आसा.गरजेच्या उड्डाण वरां सयत फकत प्रशिक्षीत आनी परवानो आशिल्ल्या ‘टँडम पायलटांक’ वेवसायीक रितीन काम करपाक मेळटलें, अशी तजवीज आसा.

110 dip

मळ आणि सांड/पाणी सफाई कामगार म्हूण रोजगार प्रतिबंद आनी पुर्नवसन कायदो 2013 खाला खंयचीय व्यक्ती, थळावी यंत्रणां वा खंयचीय एजन्सी प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान खंयच्याय व्यक्तीक sewage गटार वा सेप्टिक टाकयेच्या जोखीमेच्या नितळसाण करपाच्या कामा खातीर नियुक्त करपाक बंदी आसा, अशें समाज कल्याण खात्यान कळीत केला. ह्या कायद्याच्या अंमलबाजावणी खातीर कायद्यातल्या तजवीजे प्रमाण राज्यात राज्य देखरेख समिती, दक्षता समिती, जिल्लो पांवड्यार सर्वेक्षण समिती, राज्य पांवड्यार सर्वेक्षण समिती स्थापन केल्ली आसा. कायद्यान बंदी आसून legit अशा कामाक लावप्यांचेर कायद्याचे कलम 7 च्या खाला कारवाय जातली. उल्लंघन

करप्याक दोन वर्सां मेरेन बंदखण वा दोन लाख रुपयां दंड वा दोनीय शिक्षा आणि मुखार पाच वर्सां मेरेन बंदखण वा पाच लाख रुपयां दंड वा दोनीय शिक्षा जावपाक शकता.

ह्यो खबरो तुमि आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान आयकतात

आता मुखावेल्यो खबरो

Divyang dip 110

दिव्यांगत्व व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयान दिव्यांग श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक (एक पुरस्कार), उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था (एक पुरस्कार), उत्कृश्ठ दिव्यांग व्यक्ती (एक पुरस्कार) आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी (चार पुरस्कार) he राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर दिव्यांग मालक, बिगर सरकारी संस्थां, दिव्यांग व्यक्ती आनी दिव्यांग कर्मचाऱ्यां कडल्यान विहित नमुन्यातल्यान अर्ज मागयल्यात.

उत्कृश्ठ दिव्यांग कर्मचारी श्रेणीत दोळयांनी न दिसप, आयकुपाक न येवप आनी शारीरिक दिव्यांग अशा वर्गात प्रत्येकी एक पुरस्कार दितले. 50,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र अशें पुरस्कारांचे स्वरूप आसा.

विहित नमुन्यातले अर्ज दिव्यांगत्व व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयांत फुकट उपलब्ध आसात. पुराय भरिल्ले अर्ज राजपत्रीत अधिकाऱ्यान प्रमाणीत केल्ल्या आवश्यक दाखल्यांच्या प्रती सयत 18 नोव्हेंबर मेरेन दिव्यांगत्व व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयांत पावपाक जाय. हे पुरस्कार 19 डिसेंबर 2025 दिसा गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात मुख्यमंत्र्याच्या हस्तुकीं bhetaytle

Sahakari puraskaar subhash 100

सहकार वाठारांत उल्लेखनीय वावर करून सहकारी चळवळींत म्हत्वाचें योगदान दिवपी व्यक्ती आनी सहकारी संस्थांचो भोवमान करपा खातीर गोंय सरकारान 'गोवा राज्य सहकारी पुरस्कार 2025' खातीर अर्ज मागयल्यात. हे पुरस्कार गोंय राज्य सहकारी पुरस्कार आनी सहाय्य येवजणे खाला दितले,

ह्या पुरस्कारांत 'गोवा सहकार रत्न' यादस्तीक आनी 1 लाख 25 हजार रोख, 'गोवा सहकार भूषण' यादस्तीक आनी panchattar हजार, 'गोवा सहकार श्री' यादस्तीक आनी 50 हजार रोख, राज्यांतलो उत्कृश्ट सहकारी संस्था प्रोत्साहन पुरस्कार (सहकारी संस्था) दरेक संस्थे

खातीर यादस्तीक आनी सहकार वाठारातल्या ५० व्यक्तींक मजत दिवप हांचो आस्पाव आसा. वेबसायटीचेर तशेंच सहकारी संचालक कार्यालय, सहकार संकुल, पाटो, पणजी तशेंच पणजी, म्हापला, फोंडा, मडगांव, केपे आनी दिवचल हांगा अर्ज मेळटले

Sushant 45

तियात्राच्या मळार मायक मेहता ह्या नांवान वळखुपी नामनेचे तियात्र कलाकार आनी नामनेचे वकील ॲड. मायकल रॉड्रिगीज हे आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय atthyatar वर्सां आसली. मायक मेहता हांणी कोंकणी तशेंच हिंदी आनी इंग्लीश नाटकांनी काम केलां. ताणी आपल्या पुराय कारकिर्दींत 550 परस चड तियात्र आनी हेर भाशांतल्या नाटकांनी काम केलां.

Imd 25

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान २९.४ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २४.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात आतामेरेन पडपी पाव्सावीशी उलयताना मुखेल वैत्यानिक **नहुष कुलकर्णी हाणी सांगले** byte

स्पोट्‌र्स 120

गोयात तालीगांवच्या श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियमांर सुरू जावपी फिडे वर्ल्ड कप 2025 सर्तींत सर्वोत्तम बुद्धिबळ प्रतिभेचे आयोजन केला. आठ फेरयेंतल्या नॉकआउट सर्तींत byayshi देशांतले 206 खेळगडे 20 दशलक्ष डॉलर इनामां खातीर आनी 2026 वर्साच्या उमेदवार सर्तींत तीन प्रतिश्ठीत सुवातीं खातीर सर्त करता. संवसारीक विजेते डी गुकेश, आर प्रग्नानंद आनी अर्जुन एरिगाईसी हांचे वांगडा दिग्गज विदित गुजराती आनी पेंटाला हरिकृष्ण he पंगडाचें फुडारपण करतात. ह्या ट्रॉफीक विश्वनाथन आनंद ट्रॉफी अशें नांव दिलां. पूण ह्या sartint संवसारीक क्रमांक 1 मॅग्नस कार्लसन, संवसारीक क्रमांक 2 हिकारू नाकामुरा आनी संवसारीक क्रमांक 3 फाबियानो कारुआना - ह्या सगळयांनी हेर सर्तींचो आनी वैयत्तीक वचन/बद्धतेचो उल्लेख करून ह्या वर्सा भाग घेवना

सोपोवचे पयली परत एक फावत काय मुखेल खबरो

- प्रत्येकांक हक्काचे  घर मेळचें ह्या हेतान म्हजे घर येवजण आनी कायदो तयार जालो अशें mukhelmantri dr Pramod sawant hani सांगले
- गोंय पर्यटन खात्यान नवे 'गोवा एअरो स्पोर्ट्स नेम 2025' अधिसूचित केल्या.
- प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्षपणान  खंयच्याय  व्यक्तीक sewage गटार वा सेप्टिक टाकयेच्या जोखीमेच्या नितळसाण करपाच्या कामा खातीर नियुक्त करपाक बंदी आसा, अशें समाज कल्याण खात्यान कळीत केला.
- दिव्यांगत्व  व्यक्ति सशक्तिकरण संचालनालयान दिव्यांग श्रेणींत उत्कृश्ठ मालक , उत्कृश्ठ बिगर सरकारी संस्था, उत्कृश्ठ दिव्यांग व्यक्ती (एक पुरस्कार) आनी उत्कृश्ठ कर्मचारी he राज्य पुरस्कार भेटोवपा खातीर दिव्यांग कर्मचाऱ्यां कडल्यान विहित नमु/न्यातल्यान अर्ज मागयल्यात.
- आणि ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावले प्रादेशिक खबरापात्र तुमका आयकूंक मेळटलें फाल्या सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर नमस्कार